**राज्यपालान सर्गेस्त पर्रीकरांच्या उगडासाक ओपली आर्गां**

ता. 13 डिसेंबर 2021

गोंयचें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज मिरामारच्या स्मृती स्थळार वचून आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी आदले गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांची आयज जयंती. राज्यपालान स्मृती स्थळार पुष्पचक्र दवरून आनी फुलां अर्पण करून सर्गेस्त मनोहर पर्रीकराच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

श्री. उत्पल पर्रीकर, राज्यपालांचे सचीव श्री. आर. मिहीर वर्धन आनी हेर सरकारी अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1035

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji